# बाल आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचो कर्टन रेझर कार्यक्रम

ता. 5 जानेवारी 2026

बाल आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव 2026 चो कर्टन रेझर कार्यक्रम आयज मडगांवा रवींद्र भवनात दोन समर्पित सत्रांच्या आयोजनातल्यान जालो.

ह्या कार्यक्रमाक पुराय गोंयांतल्यान शाळांचे प्रतिनिधीत्व करपी संस्थांचे मुखेली, शिक्षक आनी पालक-शिक्षक संघटनांचे प्रतिनिधी उपस्थित आशिल्लें.

भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत, चित्रपट निर्माते आनी अभिनेते दामोदर (दामू) नाईक; शिक्षण खात्याच्यो उपसंचालक श्रीमती सिंधू प्रभू देसाय; म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे माहिती सहाय्यक श्री सिद्धेश सामंत, महोत्सव संचालक श्री बिपिन खेडेकर आनी श्री सिद्धेश नाईक हांच्या उपस्थितीत कार्यक्रमाचे उक्तावण जाले.

कर्टन रेझर कार्यक्रमाची दोनीय सत्रां आकर्शक स्वरूपात जाली. कार्यक्रमाची सुरवात बीसीआयएफएफ 2025 ची रील्स आनी झलक दाखोवन जाली, जातूंतल्यान प्रेक्षकांक महोत्सवाच्या प्रेरणादायी प्रवासाची आनी भुरग्यांखातीर म्हायतीपूर्ण चित्रपटांच्या उत्सवाची एक रोमांचक झलक पळोवपाक मेळ्ळी.

उपरांत महोत्सवाचे संचालक श्री. बिपिन खेडेकर हांणी बीसीआयएफएफ 2026 विशीं सविस्तर सादरीकरण केले. तांणी उपस्थितांक ह्या वर्साच्या आवृत्तीविशीं म्हायती दिली. ह्या महोत्सवात राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय चित्रपट प्रदर्शनां, भुरगीं आनी पालकां खातीर सर्ती, सर्जनशील कार्यशाळा, नामनेच्या चित्रपट निर्मात्यांचे मास्टर क्लासेस आनी युवकांमदी कल्पनाशक्ती, कथाकथन आनी चित्रपटसृष्टीची आवड निर्माण करपा खातीर तयार केल्ल्या उपक्रमांचेर उजवाड घातलो.

ह्या वेळार उलयतना मंत्री दिगंबर कामत हांणी बाल आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव यशस्वी आनी परिणामकारक करपा खातीर पालक आनी शिक्षकांची भुमिका आनी सहभाग म्हत्वाचो आशिल्ल्याचे सांगलें. भुरग्यांमदी चित्रपटांविशी सर्जनशीलता, कल्पना, कथानक, विचार, सांस्कृतिक संवेदनशीलता जागोवपा खातीर अशें उपक्रम प्रभावी थारतात, अशें तांणी सांगलें.

श्री दामोदर (दामू) नाईक हांणी सकारात्मक, मूल्य-केंद्रित चित्रपटाचे म्हत्व सांगतना बरे तरेन तयार केल्लें चित्रपट भुरग्यांचो दृष्टिकोन, संवेदनशीलता आनी समाजाचेर बरो प्रभाव घालपाक शकतात, अशें सांगलें.

शिक्षण उपसंचालक श्रीमती सिंधू प्रभू देसाय हांणी कार्यक्रमाक उपस्थित शाळांच्या प्रतिनिधींची तोखणाय करतना हो चित्रपट महोत्सव शिक्षणिक आनी सर्जनशील उपक्रमांक प्रोत्साहन दिवपाक बरे व्यासपीठ आशिल्ल्याचे सांगलें.

माहिती सहाय्यक श्री सिद्धेश सामंत हांणी उपकाराच्या उलोवपात गोंयच्या शाळांनी बाल आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव 2026 त मोठ्या प्रमाणात सहभागी जावपाक सांगलें. महोत्सव आनी सर्तीविशीं म्हायती खातीर 8669990138/8669990139 चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/    / विगां/ 2026/19

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.